TRANSLATED COPY

**(इंग्लीशींत टंकलिखीत केल्ल्या न्याय-निर्णयाचो कोंकणी अणकार)**

<u>प्रकाशन योग्य</u>

**भारताच्या सर्वोच्च न्यायालयांत**

**फौजदारी अपिलीय अधिकारक्षेत्र**

**फौजदारी अपील क्र. 838/2021**

**(खास अनुमती याचिका (फौ.) क्र. 5442/2021 हातूंतल्यान उद्भवपी)**

**सिद्धार्थ** **...अपीलकर्ता**

**विरुद्ध**

**उत्तर प्रदेश राज्य आनी आनीक एक** **...प्रतिवादी**

**<u>आदेश</u>**

अनुमती दिली.

अपीलकर्ताचो अटकपूर्व जामीन अर्ज मंजूर जावंक जाय आसलो काय ना, हो आमच्या मुखार संक्षिप्त मुद्दो निर्णया खातीर आसा. 02.8.2021 हे तारखेच्या आदेशा प्रमाणें, आमी अंतरीम संरक्षण मंजूर केल्लें, हाची आमी नोंद घेवं येता.

सात वर्सां पयलीं दाखल केल्ल्या प्रथम माहिती अहवालांत (एफ.आय.आर.) अपीलकर्ताक आनी हेर 83 खासगी व्यक्तींक नोंद केल्ले, अशी वस्तुस्थिती मुखार आयल्या. अपीलकर्ता हो फातराचो पुरवणदार आशिल्ल्याचो दावो करता, जे खातीर ह्या धारकांक स्वामित्व (रॉयल्टी) हें

आदींच दिलां आनी ताचो निविदा प्रक्रियेंत वांटो नाशिल्लो असो ताचो दावो आसा. अशेच एके व्यक्तीक पुलीस अहवाल दाखल जाय मेरेन अंतरीम संरक्षण दिल्ल्याचें सांगलां. अपीलकर्ता हो ह्या न्यायालया मुखार येवचे पयलीं तपास प्रक्रियेंत सहभागी जाल्लो आनी आरोपपत्र दाखल करूंक तयार आशिल्ल्याचें सांगिल्लें. पूण, अटक मॅमो जारी जाल्ल्यान, ताका ह्या न्यायालया मुखार येवचें पडलां.

आरोपपत्र दाखल करूंक तयार आसा पूण फौजदारी प्रक्रिया संहितेच्या 170 कलमा प्रमाणें व्यक्तीक कस्टडींत (कोठडेंत वा ताब्यांत) घे मेरेन आरोपपत्र अभिलेखाचेर (रिकॉर्डाचेर) घेवंक मेळना अशें मत न्यायचवकशी न्यायालयान (ट्रायल कोर्ट) मांडलां, हो मुद्दो प्रतिवादीच्या विद्वान वकिलान आमच्या मुखार न्हयकारूंक ना.

वादाचें अवलोकन करूंक, फौजदारी प्रक्रिया संहितेच्या 170 कलमाची तरतूद हांगा सकयल दिता:

> "170. जेन्ना पुरावो पुरोसो आसा तेन्ना दंडाधिकाऱ्या कडेन धाडपाच्यो केशी. – (1) जरी, ह्या भागा खाला तपासणी केल्या उपरांत, वयर उल्लेख केला ते प्रमाणें पुरोसो पुरावो वा उचीत आदार आसा अशें पुलीस स्थानकाचो ताबो आशिल्ल्या अधिकाऱ्याक दिसता, अधिकारी ताब्यांत आशिल्ल्या आरोपीक पुलीस अहवाला वरवीं गुन्यांवाची दखल घेवंक आनी आरोपीची संपरिक्षा घेवपाची वा ताका संपरिक्षे खातीर धाडपाचो अधिकार दिल्ल्या दंडाधिकाऱ्या मुखार हाजीर करतलो, वा, जरी गुन्यांव जामीनपात्र आसल्यार आनी आरोपी सुरक्षा हमी दिवंक शकता आसल्यार, ताचे कडल्यान निश्चीत केल्ल्या दिसा अशा दंडाधिकाऱ्या मुखार ताणें उपस्थीत रावपाची तशेंच हेर निर्देश दिमेरेन अशा दंडाधिकाऱ्या मुखार ताणें दर दिसा हाजीर रावपाची सुरक्षा हमी घेतले."

वयर दिल्ल्या तरतुदींचेर भाश्य करपी दिल्ली उच्च न्यायालयाची न्यायीक पुर्वउदाहरणां अर्थावणी खातीर उपलब्ध आसात.

ह्या न्यायालयान स्वाधिकारांतर्गत केंद्रीय अन्वेशण ब्युरो[1], हांच्या विरुद्ध दाखल केल्ल्या प्रकरणांत प्रतिवादी हांच्या कथना कडेन समान आशिल्ल्या युक्तिवादाचें प्रकरण हाताळ्ळां की, फौजदारी प्रक्रिया संहिताचें 170 कलम हें जो मेरेन आरोपीक ताब्यांत घेना तो मेरेन आरोपपत्र

अभिलेखाचेर घेवंक न्यायचवकशी न्यायालयाक प्रतिबंधीत करता. त्या संबंदीत उतारे सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसात:

> “15. ह्या कलमांत येवपी “कस्टडी” (कोठडी वा ताब्यांत घेवप) ह्या शब्दांत पुलीस वा न्यायीक कोठडी हाचे पैकीं एकल्याचोय समावेश ना. तो फकत तपास करपी अधिकाऱ्या वरवीं आरोपीक आरोपपत्र दाखल करपाच्या वेळार न्यायालया मुखार हाजीर करप, असो अर्थ सुचीत करता, जाचे उपरांत न्यायालयाची भुमिका सुरू जाता. जरी अशें जावंक नाशिल्लें जाल्यार, तपास करपी अधिकाऱ्याक आरोपीचेर खटलो चलोवंक पुरोशे पुरावे मेळ्ळ्या उपरांत, जामीनपात्र गुन्यांवांत एकाद्रे व्यक्तीक जामिनाचेर सोडपाचो अधिकार दिवचे नाशिल्ले आनी न्यायालया कडल्यान जामिनाचेर सुटूंक अशा आरोपीक दंडाधिकाऱ्या मुखार हाजीर करप ताचेर बंधनकारक जावपाचें.
>
> 16. जरी आरोपी तपासांत सहकार्य दिता आशिल्ल्यान, आरोपी फरार जावचो ना वा समन्साचो आज्ञाभंग करचो ना ह्या कारणाक लागून ताका आरोपीक कोठडेंत दवरपाची गरज ना अशें पुलीस / तपास अधिकाऱ्याक दिसता आसत, आनी ताका अटक करिनासतना तपास पुराय जातलो अशें दिसता आसल्यार, अशा आरोपीक कोठडेंत घेवप तपास अधिकाऱ्याक बंधनकारक जायना.
>
> [...]

---

1 2004 (72) डीआरजे 629

> 19. दरेक अजामीनपात्र आनी दखलपात्र गुन्यांवांत पुलिसांनी एकाद्रे व्यक्तीक तपासाच्या हेतून आवश्यक नासल्यार लेगीत अटक करप गरजेचें आसता, अशे चुकीचे कल्पने खाला विद्वान विशेश न्यायाधीश आशिल्ल्याचें दिसता.
>
> 20. खरें तर कायदो ताचे परस वेगळें सांगता. एकाद्रे व्यक्तीक अटक करिनासतना तपास पुराय करप पुलिसांक शक्य आसल्यार आनी आरोपीन तपास अधिकाऱ्यांक सगळे बाबतीन सहकार्य दिल्यार, नियमीत आनी सर्वसामान्य परिस्थितींत पुलिसांनी सदांच एकाद्रे व्यक्तीक अटक करप आनी ताका कोठडेंत दवरप टाळूंक जाय. फकत सामकी गरज आशिल्ल्या प्रकरणांनी,

जंय व्यक्तीक अटक केल्या शिवाय तपास पुराय जायना थंय अटक करूं येता, देखीक, गुन्यांवांत गुंतिल्ली वस्तू वा शस्त्र ताब्यांत घेवंक वा आरोपीच्या साथिदारां विशीं वा हेरां विशीं कांय माहिती वा सुगावो वा खंयचोय परिस्थितीजन्य पुरावो मेळोवंक एकाद्रे व्यक्तीक अटक करप आवश्यक आसूं येता. जरी तिव्र आनी गंभीर स्वरुपाच्या गुन्यांवाक लागून आरोपी फरार जावपाची वा कार्यवाहीचो आज्ञाभंग करूंक शकता वा न्यायदानाचे प्रक्रिये पसून पळ काडूंक शकता आनी ते खातीर आरोपी हाजीर रावप कठीण आसा, अशें संबंदीत तपास अधिकारी वा पुलीस स्थानकाचो मुखेली हांकां दिसता आसल्यार, आरोपीक अटक करपाची आवश्यकताय उप्रासूं येता."

उपरांतच्या न्यायनिवाड्यांत दिल्ली उच्च न्यायालयाच्या खंड न्यायपिठान स्वाधिकारा अंतर्गत दाखल केल्ल्या (वयर उल्लेखीत) प्रकरणांत मांडिल्ल्या निरिक्षणांचेर स्वाधिकारा अंतर्गत सरकार[2] विरुद्ध दाखल केल्ल्या प्रकरणाचेर भिस्त दवरली आनी दखलपात्र आनी अदखलपात्र गुन्यांवा कडेन संबंदीत दरेक प्रकरणांत आरोपपत्र / निमणो अहवाल सादर करतना आरोपीक ताब्यांत घेवप आवश्यक ना, अशें निरिक्षण नोंद केलें.

2 (2018) 254 डीएलटी 641 (डीबी)

फकत दिल्ली उच्च न्यायालय हें एकमेव न्यायालय न्हय, जांणी हो दृश्टीकोण स्विकारला आनी फकत आरोपीक अटक करून न्यायालया मुखार हाजीर करूंक ना म्हणून फौजदारी न्यायालयां आरोपपत्र स्विकारूंक न्हयकार दिवंक शकना अशें म्हणून, हेर उच्च न्यायालयांनी ताचें अनुकरण उकतेपणान हे धारणेच्या आदाराचेर केलां.

दीनदयाल किशनचंद आनी हेर विरुद्ध गुजरात राज्य[3] हे केशींत, उच्च न्यायालयान सकयल दिल्ल्या प्रमाणें निरिक्षण दिलें:

"2. ...अभियोग पक्षाची केस अशी आशिल्ली, दोन आरोपी म्हणल्यार प्रस्तूत याचिकादार क्रमांक 4 आनी 5, ज्यो अस्तुऱ्यो आसात आनी जरी तांकां हाचे पयलीं जामिनाचेर सोडिल्ले तरी त्यो आरोपपत्रा सयत न्यायालया मुखार हाजीर करूंक उपलब्ध नाशिल्ल्यो. ते खातीर, सगळ्या आरोपींक हाजीर केल्या शिवाय, दोशारोपपत्र स्विकारूंक न्यायालयान न्हयकार दिल्ल्यान, दोशारोपपत्र सादर

करूंक मेळना आनी शेवटाक एक विशेश पत्र आनी अभिलेखा वयल्यान अशें दिसून येता की, दोशारोपपत्र हे आरोपी क्रमांक 4 आनी 5 हांच्या शिवाय सादर केल्लें. हें अभिलेखाच्या पुराव्यां वयल्यान स्पश्ट जाता. [...]

... ... ... ... ...

8. फौजदारी न्यायालयांनी एकतर विद्वान दंडाधिकारी वा तांच्या कार्यालयीन कर्मचाऱ्यां मार्फत आरोपींक हाजीर केल्या शिवाय आरोपपत्र स्विकारूंक न्हयकार दिवप, हें कायद्याचे खंयचेच तरतुदीच्या समर्थनांत ना, अशें म्हाका ह्या टप्प्याचेर म्हणप आवश्यक दिसता. ते खातीर, जेन्ना जेन्ना पुलिसां मार्फत दोशारोपपत्र सादर जातलें तेन्ना ते कर्मचारी वा दंडाधिकारी हांणी आरोपपत्रांतल्या कसल्याय वगळायल्ल्या वा आवश्यक बाबी संबंदीत आशिल्ल्या कसल्याय पुश्ठांकना सयत स्विकारचें अशें सगळ्या न्यायालयांक याद करून दिवंक जाय. पूण, जेन्ना पुलीस दोशारोपपत्र सादर करतात तेन्ना

---

3 1983 क्रि. एलजे 1583

खास करून संहितेच्या 468 कलमाचे तरतुदीक धरून, अपराधाची दखल घेवपाची मर्यादा निर्माण करतात तें लक्षांत घेवन स्विकारप, हें न्यायालयाचें कर्तव्य आसा. तेच भशेन, खंयच्याय कारणाक लागून दोशारोपपत्र स्विकारूंक ना जाल्यार सत्र न्यायाधिशांचें लक्ष योग्य गजाली कडेन वेधून घेवन योग्य ते आदेश मेळोवप, जाका लागून हाचे मुखार अशीं आडमेळीं उप्रासची नात हें पुलीस अधिकारिणींनी सगळ्या पुलीस अधिकाऱ्यांक याद करून दिवंक जाय.”

आमी उच्च न्यायालयाच्या वयर उल्लेखीत दृश्टीकोणा कडेन सहमत आसात आनी ह्या न्यायीक दृश्टीकोणाक आमची परवानगी दिवंक सोदतात. ह्यो तरतुदी आरोपपत्र दाखल करतना दरेका आरोपीक अटक करपाचें बंधन प्रभारी अधिकाऱ्याचेर लादिना अशें फौजदारी प्रक्रिया संहितेच्या 170 कलमाचे तरतुदीचो विचार करून योग्य रितीन निरिक्षण नोंद केलां. खरें म्हणल्यार, आमच्या मुखार अशीं प्रकरणां आसात जातूंत आरोपीन पुराय तपास प्रक्रियेंत सहकार्य केलां आनी तरी लेगीत आरोपपत्र दाखल जाताना, आरोपीक अटक करून ताका न्यायालया मुखार हाजीर करप

बंधनकारक आशिल्ल्याच्या आदाराचेर ताका हाजीर करूंक अजामीनपात्र अधिपत्र (वॉरण्ट) जारी केलां. आरोपी फरार जातलो वा समन्साचो आज्ञाभंग करतलो अशें जरी तपास अधिकाऱ्याक दिसना आसत, जाल्यार ताका वा तिका कोठडेंत हाजीर करपाची आवश्यकताय ना अशें आमचें मत आसा. फौजदारी प्रक्रिया संहितेच्या 170 कलमांत येवपी 'कोठडी' (custody) हो शब्द पुलीस वा न्यायालयीन कोठडी ह्या अर्थान दिवंक ना, ताचो लक्षितार्थ फकत आरोपपत्र दाखल करतना तपास अधिकाऱ्यान आरोपीक हाजीर करप असो आसा.

वैयक्तीक स्वातंत्र्य हो आमच्या घटनात्मक आदेशाचो एक म्हत्वाचो पैलू आसा हाची आमी नोंद घेवंक जाय. तपासाच्या दरम्यान आरोपीक अटक करपाचो प्रसंग अशा वेळार उद्भवता जेन्ना कोठडेंत चवकशी आवश्यक आसता वा तो घृणास्पद गुन्यांव आसता वा जंय साक्षिदारांचेर प्रभाव घालपाची शक्यताय आसता वा आरोपी फरार जावपाची शक्यताय आसता. अटक ही कायदेशीर आशिल्ल्यान ती करूं येता, पूण फकत ह्या कारणाक लागून अटक करप बंधनकारक ना. अटक करपाच्या अधिकाराचें अस्तित्व आनी ताच्या वापराचें बेकायदेशीरपणान समर्थन करप हातूंत फरक करूंक जाय. जरी अटक हो नित्यक्रम जालो जाल्यार ताका लागून व्यक्तीचे प्रतिश्ठेक आनी आत्मसन्मानाक खूब हानी जावंक शकता. जरी तपास अधिकाऱ्याक असो विश्वास दवरपाचें कारण ना की, आरोपी फरार जातलो वा समन्साचो आज्ञाभंग करतलो, आनी प्रत्यक्षांत तपासांत निमाणे मेरेन पुराय सहकार्य दिता आसल्यार आरोपीक अटक करपाची सक्ती अधिकाऱ्याचेर किद्याक आसूंक जाय, हें आमी समजूंक नात.

आमी प्रत्यक्षांत एका पुलीस अधिकाऱ्यान अटकेची परिस्थिती कशी हाताळची हे विशीं जोगिंदर कुमार प्रकरणांत जीं निरिक्षणां मांडल्यांत ताचे विपरीत अशे परिस्थितीचो समानो करतात, जंय अशें सांगला की, कलम 170 तली तरतूद लक्षांत घेवन, आरोपपत्र अभिलेखाचेर घेवंक पूर्व आवश्यक औपचारिकता म्हणून न्यायचवकशी न्यायालय आरोपीचे अटकेचो आग्रो धरता. आमी अशें मानतात की, असो उपाय अस्थानी आसा आनी फौजदारी प्रक्रिया संहितेच्या कलम 176च्या उद्देशाच्या सामको विरोधी आसा.

प्रस्तूत प्रकरणांत जेन्ना अपीलकर्ता तपासांत सामील जाला तेन्ना तपास पुराय जाला आनी प्रथम खबरी अहवाल दाखल जाल्या उपरांत सात वर्सां उपरांत जाका अटक केल्या, ताका ह्या टप्प्याचेर, आरोपपत्र अभिलेखाचेर घेवचे आदीं अटक किद्याक केली हाचें कसलेंच कारण आमकां दिसना. अपीलकर्ताच्या विद्वान वकिलान आमच्या मुखार आदींच सांगला की, समन्स जारी केल्या

उपरांत अपीलकर्ता न्यायचवकशी न्यायालया मुखार हाजिरी लायतलो, हाची आमी नोंद घेवंक जाय.

त्या प्रमाणें, आमी आक्षेपीत आदेश रद्द करतात आनी वयल्या अटींचेर अपील मंजूर करतात आनी संबंदीत पक्षकारांनी तांचो स्वताचो खर्च भोगचो.

.........................न्या.
[संजय किशन कौल]
.........................न्या.
[ऋषिकेश रॉय]

नवी दिल्ली;
16 ऑगस्ट 2021.

बाब क्र. 38 न्यायालय क्र. 6 (व्हिडिओ कॉन्फरन्सींग) विभाग II

भारताचें सर्वोच्च न्यायालय

न्यायप्रक्रियेचो अभिलेख

खास अनुमती याचिका (फौ.) क्र. 5442/2021

(अलाहबाद हांगच्या उच्च न्यायालयाच्या अधिकारक्षेत्रांत, लखनऊ खंडपीठ हांणी सी. आर. एम. बी. ए. क्र. 5029/2001 हातूंत तारीख 09/07/2021 दिसा पारीत केल्लो आक्षेपीत न्यायनिर्णय आनी आदेश हातूंतल्यान उद्भवपी)

सिद्धार्थ .... अपीलकर्ता

विरुद्ध

उत्तर प्रदेश राज्य आनी हेर .... प्रतिवादी

तारीख – 16/08/2021. ही याचिका सुनावणे खातीर आयज घेतली.

कोरम – मा. न्यायमुर्ती संजय किशन कौल<br>
मा. न्यायमुर्ती ऋषिकेश रॉय

अपीलकर्ता खातीर – श्री. पी. के. दुबे, वरिश्ठ आदवोगाद<br>
श्री. रवी शर्मा, ए.ओ.आर.<br>
श्री. संदीप गौर, आदवोगाद<br>
श्री. सुजीत कुमार, आदवोगाद<br>
श्रीमती मधुलिका राय शर्मा, आदवोगाद<br>
श्रीमती छाया गुप्ता, आदवोगाद

श्री. अंजनी कुमार राय, आदवोगाद

प्रतिवादी खातीर – श्रीमती गरिमा प्रशाद, वरिश्ठ आदवोगाद, ए.ए.जी.
श्री. सर्वेश सिंग बाघेल, ए.ओ.आर.
श्री. उत्कर्ष शर्मा, आदवोगाद

विद्वान वकिलांचें म्हणणें आयकून घेतल्या उपरांत न्यायालयान सकयलो आदेश पारीत केलो.

**आदेश**

अनुमती दिली.
स्वाक्षरीत केल्ल्या प्रकाशन योग्य आदेशाच्या अटींच्या आदाराचेर अपील मंजूर करतात.
प्रलंबीत अर्ज निकालांत काडटात.

| | |
|---|---|
| (रश्मी ध्यानी) | (पुनम वैद) |
| कोर्ट मास्टर | कोर्ट मास्टर |

(स्वाक्षरीत प्रकाशन योग्य आदेश फायलींत घातला)

***अस्विकरण***

*ह्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी भाशेंतल्या ह्या अणकाराचो वापर हो पक्षकाराक ताचे/तिचे मायभाशेंत ताचो अर्थ समजून घेवपा पुरतोच मर्यादीत आसतलो आनी ताचो हेर खंयच्याच कारणा खातीर वापर करूंक मेळचो ना, तशेंच इंग्लीश भाशेंतलो न्यायनिर्णय होच सगळ्या वेव्हारीक आनी कार्यालयीन वापरा खातीर विश्वासनीय*

आसतलो आनी तोच तातूंतल्या आदेशाच्या कार्यान्वयन आनी अंमलबजावणे खातीर वैध मानतले.

**TRANSLATED BY DIRECTORATE OF OFFICIAL LANGUAGE, PANAJI, GOA**